**प्रधानमंत्र्यान आझाद मैदानाक भेट दिवन हुतात्म्यांक आर्गां ओपलीं**

ता. 19 डिसेंबर 2021

गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक हजर रावपा खातीर गोंय भेटेर आयिल्ले देशाचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आयज पणजेच्या इतिहासीक आझाद मैदानाक भेट दिली आनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र अर्पण करून हुतात्म्यांक आर्गां ओपलीं.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव श्री. परिमल राय आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार सशस्त्र सेना दळांच्या पंगडांनी आपली शस्त्रां उरफाटी धरून हुतात्म्यांक शस्त्र मानवंदना दिली. वाद्य पंगडान लास्टपोस्टची धुन वाजयली.

उपरांत प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी मिरामार सेल परेड आनी फ्लाय पास्ट कार्यावळीक उपस्थित रावले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हेवूय फ्लाय पास्ट आनी सेल परेडीक उपस्थित आशिल्लें. गोंय मुक्ती हिरक महोत्सवी वर्सा निमतान भारतीय नौदळ, हवाई दळान सेल परेड आनी फ्लाय पास्ट संचलनाचे आयोजन केल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1062

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji